Aakashwani Panaji- 8.40 am National Bulletin 16 january 2025

---

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत सिंगापूराचे राष्ट्राध्यक्ष थर्मन शनमुगरत्नमाची भेट घेतले . राष्ट्रपती भवनांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांचे कडेनय शनमुगरत्नमाची चर्चा जातली . तशेंच राष्ट्रपती मुर्मू तांच्या सन्मानार्थ मेजवानीय आयोजीत करतल्यो .काल नवी दिल्लींत विदेश वेव्हार मंत्री dr एस जयशंकर हांणी तांचे वांगडा बसका घेतली. अर्दवायू, उद्देगीक उद्यानां, कुशळटाय आनी वेपार उदरगत ह्या मळार सहकार्याचेर दोनूय फुडाऱ्यांनी चर्चा केली. सोशल मिडिया पोस्टांत जयशंकर हांणी , दोनूय देशांच्या द्विपक्षीय संबंदांची 60 वर्सां पुराय जाल्ल्यान सिंगापूराचा राष्ट्राध्यक्षांची भेट, इंडिया - सिंगापूरच्या व्यापक रणनिती भागीदारींत नवी गती जोडटली असो विस्वास तांणी उक्तायलो.

---

प्यागराजांत चालू आशिल्ल्या महाकुंभ मेलांत आयज 'संस्कृती का महाकुंभ' भव्य सांस्कृतीक सुवाळो सुरू जातलो . ह्या कार्यावळींत नामनेच्या कलाकारांच्या मनभुलोवपी सादरीकरणाच्या माळे वरवीं भारतीय संस्कृतायेची गिरेस्तकाय दाखयतले. गंगा पंडाल ह्या मुखेल माचयेर देशभरांतल्या नामनेच्या कलाकारांनी सादरीकरण करतले, तातूंत उक्तावण दिसा शंकर महादेवनाचे खाशेलें सादरीकरण आसतलें. तशेंच आयज यमुना आनी सरस्वती पंडालांचेर सांस्कृतीक कार्यावळी सुरू जातली, जाल्यार त्रिवेणी पंडालांत 21 जानेवारी सावन सांस्कृतीक रागांचो मेळ जातलो.10 हजार प्रेक्षकांची क्षमता आशिल्ली गंगा पंडाल भक्ती आनी दायजाच्या ह्या उत्सवा खातीर मुखेल स्थळ आसतले .

---

चालू आशिल्ल्या महाकुंभाच्या तिसऱ्या दिसा भक्तांक प्रयागराजाक पावपाक मजत करपा खातीर भारतीय रेल्वेन 349 नेमान चलपी गाडयांवांगडाच 137 खासा

रेल्वे सुरू केल्यात. भक्तांच्या सोयी खातीर 46 दिसांच्या महाकुंभांत तेरा हजारां परस चड गाडयो चलोवपाची येवजण भारतीय रेल्वेन सांगलां. ह्या गाडयांमदीं धा हजारांपरस चड नेमान चलपी आनी तीन हजारांवयर खास गाडयो आसात. तशेंच प्रयागराजाक जोडपी रिंग रेल्वेंतल्यान पांचशें परस चड रेल्वे चार वेगवेगळ्या मार्गांचेर चलता अशें रेल्वेन सांगलां. तातूंत आनीक 17 नवे कायमस्वरूपी यात्री आश्रय जोडल्यात, जाका लागून रेल्वे स्टेशनांचेर यात्री आश्रयांची वट्ट संख्या 28 जाल्या. तांची क्षमता एक लाख धा हजारां परस चड जाल्या. ते भायर रेल्वेन 5,900 सुरक्षा कर्मचारी, 764 नवे सीसीटीव्ही कॅमेरे, आनी ड्रोन पळोवणी करून चालू आशिल्ल्या महाकुंभाची सुरक्षाय घटमूट केल्या.

---

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह आयज मुंबय, चेन्नय, कोलकाता, बेंगळुरू, हैदराबाद, कोचीन आनी अहमदाबाद विमानतळार ‘फास्ट ट्रॅक इमिग्रेशन - ट्रस्टेड ट्रॅव्हलर प्रोग्रामाचे उक्तावण करतले. हाका लागून प्रवाशांक संवसारीक दर्ज्याची इमिग्रेशन/ देशांतर सुविधा मेळटली, जाका लागून आंतरराष्ट्रीय प्रवास सुरक्षीत जातलो.घर मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण, ह्या कार्यावळींत नांव नोंद करपा खातीर अर्जदारांनी आपलो तपशील भरून आनी गरजेचे कागदपत्र ftittp.mha.gov.in ह्या पोर्टलाचेर अपलोड करून ऑनलायन नोंदणी पुराय करची पडटा. नोंदणीकृत अर्जदारांचे बायोमेट्रीक डेटा एक तर विदेशी प्रादेशिक नोंदणी कार्यालयांत वा विमानतळा वयल्यान वतना काडटले.नोंदणीकृत प्रवाशांनी ई-गेटाचेर आपलो विमान कंपनीचो बोर्डिंग पास स्कॅन करचो पडटलो, उपरांत पासपोर्ट स्कॅन करचो पडटलो. येवप आणि वचपाक प्रवाशाचें बायोमेट्रीक ई-गेटांचेर प्रमाणीत करतले. एकदां हें प्रमाणीकरण यशस्वी जाले उपरांत, ई-गेट आपोआप उगडटलो, आनी इमिग्रेशन मंजूर केल्या अशें मानतले.देशभरांतल्या 21 मुखेल विमानतळांचेर एफटीआय-टीटीपी चालीक लायतले.घरमंत्र्यांनी फाटल्या वर्सा जूनांत नवी दिल्लींतल्या इंदिरा गांधी आंतरराष्ट्रीय विमानतळाच्या टर्मिनल-3 वयल्यान फास्ट ट्रॅक इमिग्रेशन ट्रस्टेड ट्रॅव्हलर प्रोग्राम सुरू केल्लो.

राष्ट्रीय राजधानी दिल्लींत हवेचो दर्जो देवत आशिल्ल्यान हवेचो दर्जो वेवस्थापन आयोगान दिल्ली-एनसीआरांत ग्रेडेड रिस्पॉन्स ॲक्शन प्लॅन (GRAP ) 3 आनी 4 खाला सगळ्यो कृती लादपाचो निर्णय घेतला. जीआरएपी-3 खाला पुराय एनसीआरांत गरजे भायर बांदकाम कामां आनी रस्तो बांदकाम कार्यावळींचेर बंदी घाल्या. ते भायर एनसीआरांत दिल्ली सरकाराक पांचव्या वर्गा मेरेनच्या भुरग्यां खातीर शाळांनी संकरीत मोड करचो पडटलो. चवथ्या टप्प्याच्या वर्गा खाला शाळांनी स ते णववी आनी तेरावी वर्गांतय शिकपी विद्यार्थ्यां खातीर संकरीत वर्ग सक्तीपणान करचे पडटले.

---

19 जानेवारीक आकाशवाणीचेर जावपी 'मन की बात' कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी देशांतल्या आनी विदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार मांडटले. म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो हो 118वो भाग आसतलो.लोकांनी ह्या कार्यावळी खातीर आपलीं कल्पना आनी सुचोवण्यो टोल फ्री क्रमांक 1800-11-7800 वरवीं सादर करूं येतात. तशेंच लोक नरेंद्र मोदी ॲप वा mygov ओपन फोरम वरवीं आपलें मत ऑनलायन दिऊ घेवंक शकतात. येवपी एपिसोडा खातीर सुचोवण्यो ह्या म्हयन्याचे 17 तारखे मेरेन मान्य जातल्यो.

---

कताराचे प्रधानमंत्री मोहम्मद बिन अब्दुलरहमान अल थानी हांचे कडेन बसके उपरांत इझ्राएल आनी हमास हांणी गाझा युद्धविराम आनी बंधक सोडपाची कबलात केल्या. ही कबलात आयतारा सुरू जावपाची आसा आनी ती 42 दीस चलतली. तीन टप्प्यांची येवजण उजवाडाक आयिल्ली ना, पूण हमासाच्या बंधकांतल्या 33 कैद्यांचो अदलाबदल इझ्राएलाच्या बंदखणींतल्या पॅलेस्टायन कैद्यां कडेन झुजविरामाच्या पयल्या स सप्तकांत जातलो अशें सूत्रांनी कळयला

---

सरकाराचो मुखेल उपक्रम स्टार्टअप इंडियाक आयज णव वर्सां पुराय जाल्यात. स्टार्टअप संस्कृतायेक उत्प्रेरक जावन देशांतल्या नवनिर्माण आनी उद्देजकते खातीर घटमूट आनी समावेशक पर्यावरण प्रणाली तयार करपाचो हे येवजणेचो

हेतू आसा. स्टार्टअप इंडिया इनिशिएटिव्ह हांणी एक घटमूट स्टार्टअप पर्यावरण प्रणाली तयार करपा खातीर आनी भारताचें रुपांतर नोकरी सोदप्यां बदला नोकरी निर्माण करपी देशांत करपा खातीर जायते कार्यक्रम सुरू केल्यात. फाटल्या णव वर्सांत स्टार्टअप इंडिया उपक्रमान देशांत एक जिवंत उद्देजक पर्यावरण प्रणाली घडोवपाक म्हत्वाची भुमिका साकारल्या. एक लाख एकूणसाठ हजारां परस चड स्टार्टअप आशिल्ल्या भारतान संवसारांतली तिसरी व्हडली स्टार्टअप इकोसिस्टम म्हूण स्थापन जाल्या ताका लागून वेगवेगळ्या क्षेत्रांनी 16 लाखां वयर थेट नोकऱ्यो निर्माण जाल्यात. स्टार्टअप इंडिया उपक्रमान स्टार्टअपांक तांच्या प्रवासाच्या वेगवेगळ्या पांवड्यार व्यापक आदार दिवपा खातीर वेगवेगळीं मुखेल येवजण्यो सुरू केल्यात. ह्या येवजण्यांचो हेतू निधी, बाजारांत प्रवेश, आनी पतपुरवठ्याची हमी अशा गंभीर वाठारांक मार्गदर्शन करप, स्टार्टअपांची वाड आनी शाश्वतपण सुनिश्चीत करप आसा . भारत नवनिर्मणांत जागतीक फुडारी जावपाचे दिकेन आपलो प्रवास चालू दवरता आनी स्टार्टअप इंडिया कार्यावळ अर्थीक वाड आनी जिवंत उद्देजक पर्यावरण प्रणालीचो एक मुखेल चालक उरता.

---

लक्षद्वीपांत सुहेली जुंव्या लागसार बेपत्ता जाल्ली बायलां आनी भुरग्यां सयत जायत्या जाणांक व्हरपी नुस्तेमारी बोट काल भारतीय दर्यादेग राखणेच्या जहाजान सोडयली. ती बोट कावरती सावन सुहेली जुंव्यार तीर्थयात्रेक गेल्ली. लक्षद्वीप प्रशासनाच्या संकश्टाच्या कॉला उपरांत दर्यादेग राखणदारान सोद आनी बचाव कार्यावळ सुरू केली आनी दर्यादेगेवेल्या निरिक्षण प्रणाली वरवीं बोटीचो सोद लायलो. संकश्टांतल्या जहाजाचेर आशिल्ल्या सगल्या चौपन्न जाणांक सोडयले, तातूंत 22 बायलो, 23 भुरगीं, 9 दादले आनी तीन कामगार आशिल्ले. तांकां kavarati व्हरून दवरले.

---

केरळांत विदेश वेव्हार राज्यमंत्री कीर्ति वर्धन सिंग आयज सांजवेळा कोच्चींतल्या भौशीक धोरण संशोधन केंद्राच्या सहकार्यान विदेश वेव्हार मंत्रालयान आयोजीत

केल्ल्या कोची संवाद 2025 साच्या पयल्या आवृत्तीचें उक्तावण करतले.2 दिसांचो ट्रॅक 1.5 मुत्सद्देगिरी संवाद भारत आनी आखाती सहकार मंडळ देशां मदले संबंद घटमूट करपा खातीर भागीदारी आनी सहकार्याक पोसवण दिवपा खातीर "भारताचें, लुक वेस्ट धोरण इन ऍक्शन: लोक, समृध्दी आनी प्रगतीचेर" लक्ष केंद्रीत करतले.

---

भारतीय हवामान खात्यान आयज उत्तर प्रदेश आनी राजस्थानांत रातच्या वेळार, सकाळीं , आनी फाल्यां मेरेन दिल्ली, पंजाब, हरियाणा, आनी चंडीगढ हांगा दाट ते खूब दाट धुक्याची परिस्थिती आसतली असो अदमास उक्तायला .

---